**Aakashwani Panaji National Bulletin 8.40 am 26th October 2025**

PM

आकाशवाणीचेर, आयज सकाळीं 11 वरांचेर मन की बात कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी देशांतल्या आनी परदेशांतल्या लोकां कडेन आपले विचार मांडटले . म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो हो 127वो भाग आसतलो. हो कार्यक्रम पुराय आकाशवाणी आनी दूरदर्शन नेटवर्क, एअर न्यूज संकेतथळ, न्यूजॉन एअर मोबायल ॲपाचेर प्रसारीत जातलो. तशेंच एअर न्यूज, डीडी न्यूज, पीएमओ, आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचे थेट प्रसारण जातलें . आकाशवाणी हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडोच प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत जातली .

-------------------------------------

Nadda

भलायकी आणि कुटुंब कल्याण मंत्री जे.पी. नड्डा यांनी वैजकीय शिक्षणातल्या देशाच्या प्रगतीचेर उजवाड घालो आणि सांगले की, देशात आता ८१९ वैजकीय महाविद्यालयां आसात. त्यांनी सांगले की, देशात पदवीपूर्व वै जकीय सुवानांची संख्या ५१ हजारां वेल्यान १ लाख २९ हजार जाल्या. नवी दिल्लीत अखिल भारतीय वैजकीय विज्ञान संस्था (एम्स) च्या ५० व्या दीक्षांत समारंभात उलयताना, मंत्रयांन सांगले की पदव्युत्तर वै जकीय सुवानांची संख्याय जवळपास ७८ हजारांमेरेन वाडल्या.

-------------------------------------

PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज 22व्या आशियाई - भारत शिखर सभेंत आभासीपणान हाजीर रावपाचे आसात. विदेश वेव्हार मंत्रालयान एका निवेदनांत , प्रधानमंत्री

मोदी आनी आशियाई फुडारी संयुक्तपणान आसियान-भारत संबंदांतल्या प्रगतीचो नियाळ घेतले आनी व्यापक रणनिती भागीदारी घटमूट करपा खातीर उपक्रमांचेर चर्चा करतले अशे सांगला . आसियाना कडेन संबंद घटमूट करप हें भारताचे कायदो उदेंत धोरण आनी भारत-पॅसिफीक नदरेक एक मुखेल खांबो आसा . 27 ऑक्टोबराक कुआलालंपूरांत जावपी विसाव्या उदेंत आशिया शिखर सभेंत विदेश वेव्हार मंत्री dr s जयशंकर प्रधानमंत्री मोदीचें प्रतिनिधित्व करतले. उदेंत आशिया शिखर सभेंत भारत-पॅसिफीक वाठारांतल्या शांतताय, स्थिरताय आनी समृध्दीच्या आव्हानां विशीं विचार करपाची संद मेळटली आनी तशेंच प्रादेशिक आनी आंतरराष्ट्रीय घडामोडीं विशीं मतांचे आदान-प्रदान जातलें

------------------------------------

VP

उपराष्ट्रपती सीपी राधाकृष्णन आयज दोन दिसांच्या Seychelles साच्या दौर्यार आसतले आनी seychelles साचे राष्ट्राध्यक्ष dr. Patrick Herminie हांच्या सोपूत सुवाळ्यात वांटो घेतले. हे भेटी वेळार उपराष्ट्रपती दोनूय देशां मदले बऱ्याच काळासावन चलत आयिल्ले आनी काळांतरान परिक्षीत केल्ले संबंदांची परतून पुष्टी करतले अशे विदेश वेव्हार मंत्रालयानं सांगला . भारताच्या व्हिजन महासागरा खाला seychelles हो म्हत्वाचो भागीदार आसा. seychelles कडेन भागीदारी आनीक घटमूट करपाची आनी वाडोवपाची भारताची वचनबद्धताय हे भेटींतल्यान स्पश्ट जाता.

------------------------------------

Naidu

केंद्रीय नागरी विमानन मंत्री राममोहन नायडू हांणी काल दिल्लीच्या इंदिरा गांधी आंतरराष्ट्रीय विमानतळाच्या नव्यान तयार केल्ल्या टर्मिनल 2 चें औपचारीक

उक्तावण केलें. आयज सावन ह्या टर्मिनलाची प्रवाशांची येरादारी सुरू जातली. ह्या संदर्भार उलयतना नायडू हांणी , विमान क्षेत्रांत सतत उदरगत जायत आसा आनी चडांत चड लोक हवाई मार्गान प्रवास करचे हे खातीर मंत्रालय यत्न करता अशे सांगले .

------------------------------------

Vaishnav

मोबायल उत्पादनांत भारत आत्मनिर्भर जावपाचे वाटेर आसा अशें इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलां. नवी दिल्लींत पत्रकारां कडेन उलयतना मंत्री  वैष्णव हांणी, दोन वर्सां भितर देशांत मोबायल फोनाच्या घटकांचें पुराय देशी उत्पादन मेळटलें अशे सांगलें . ह्या सणाच्या हंगामांत आतां मेरेन सुमार देड कोटी प्रवाशांनी रेल्वेंतल्यान प्रवास केला अशें  मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी पत्रकारां कडेन उलयतना सांगलें. महोत्सवाचो काळ सोंपता म्हणसर हो आंकडो सुमार 2.5 कोटी आसपाची शक्यताय आसा अशें तांणी सांगलें. गर्दीचें वेवस्थापन सुगम करपा खातीर 30 स्टेशनां वयल्यान व्हड होल्डिंग एरिया स्थापन केल्यात अशें मंत्री  वैष्णव हांणी मुखार सांगलें.

------------------------------------

GST

नरेंद्र मोदी सरकारान खुपशा क्षेत्रांम .दी जीएसटी दर कमी केल्यान २२ सप्टेंबर सावन जीएसटी बचत उत्सव सुरू जालो जाका लागुन  देशभरातल्या नागरिकांक फायदो जाला . NEXT GEN जीएसटी सुधारणा खुप तरेन चालना दिता तशेच सहकारी संस्थांमध्ये दुग्धजन्य पदार्थावेल्या कर दर कपातीन  एमएसएमई वाढीक चालना मेळल्या, बाजारपेठेत ली स्पर्धात्मकता वाढल्या आणि अधिक रोजगाराच्यो संधी निर्माण जाल्यात. आकाशवाणी न्यूजशी उलयताना, हरियाणात ले शेत कार

भीम मलिक यांनी जीएसटी कपातीचे स्वागत केले आणि म्हणले की त्यांनी त्यांच्या नवीन ट्रॅक्टर खरेदी चेर सुमार १ लाख २५ हजार रुपया वाच यल्यात

**बाइट- भीम मलिक**

------------------------------------

Chatth

चार दिसांचो छठ पुजेचो उत्सव देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी नहाय-खाय ह्या विधीन सुरू जालो. ह्या उत्सवांत सूर्यदेवाचो भोवमान जाता आनी सैम आनी नितळसाण हांचीं मुल्यां मनयतात. काल उत्सवाच्या पयल्या दिसा भक्तांनी पवित्र बुडटी घेतली आनी प्रसाद रुपांत अरवा तांदूळ, चण्याची  दाळ आनी दुधी हांचें सादें जेवण घेतलें. मंगळारा सकाळीं उदेंतेच्या सूर्याक अर्पण करून महोत्सवाचे समापन जातलें

------------------------------------

Shivraj

केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी रामनाथपुरम शिवगंगा, ठूथुकुडी आनी विरुधुनगर जिल्हयांचो प्रधानमंत्री धन धान्य  कृशी येवजणे खाला आस्पाव केला अशें सांगलां. वेल्लोरांतल्या शेतकारां वांगडा  संवाद सादतना तांणी, ह्या प्रकल्पा खाला शेतकारांक व्यापक फायदो दिवपा खातीर 36 येवजण्यो एकठांय करतात अशे सांगले . तांणी सहभागी चार कृशी विज्ञान केंद्रांच्या मुखेल्यां कडेन येवजण अभिसरणाचे प्रगतीचो नियाळ घेतलो. तांणी  सैमीक शेती पद्दतीचेर आनी नॅशनल पल्स मिशनाचेर भर दिलो, तातूंत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचा  दाळ उत्पादनांत देश स्वताचेर आदारून रावपाचा दृष्टीकोनाची जाणीव करून दिली

-------------------------------------

Bihar

बिहार विधानसभा वेंचणुकेच्या पयल्या पांवड्या  वांगडाच दुसऱ्या पांवड्या  खातीर प्रचाराकय गती मेळ्ळ्या. पयल्या पांवड्या  खातीर 6 नोव्हेंबराक 121 विधानसभा मतदारसंघांनी मतदान जातलें जाल्यार दुसऱ्या पांवड्या खातीर  11 नोव्हेंबराक 122 मतदारसंघांनी मतदान जातलें. एनडीए आनी महागठबंधन ह्या दोनूय पक्षांचे वरिश्ठ फुडारी प्रचारक आयज जायत्या वेंचणुकांच्या रॅलींक उलोवपाचे आसात. प्रचाराच्या काळांत दोनूय मुखेल युतींचे फुडारी कायदो आनी सुवेवस्था, बेकारी, स्थलांतर, बिहाराची उदरगत, आनी हेर  प्रस्नांचेर उलयतात . भारतीय जनता पार्टी (भाजपा), जनता दल (युनायटेड), राष्ट्रीय जनता दल , कॉंग्रेस ह्या सारक्या वेगवेगळ्या पक्षांतले फुडारी आनी स्टार प्रचारक प्रचारांत सक्रीयपणान वावुरतात. जन सुरज, राष्ट्रीय लोकजनशक्ती पार्टी (रालोजेपी), आनी बहुजन समाज पक्ष (बसपा) हांणीय वेंचणुकेची प्रचार चड खर केल्या.

-------------------------------------

IMD

भारतीय  हवामान खात्यान आयज अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांर  आनी सौराष्ट्र आनी कच्छाचेर एकसुरे सुवातेर पावस पडपाचो अदमास उक्तायला . तशेंच आंध्र प्रदेश, गुजरात प्रदेश, केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, आनी अस्तंत मध्य प्रदेशांत  एकसूर्या  सुवातींनी  पावस पडपाची खूब शक्यताय आसा. हवामान खात्यान  आंध्र प्रदेश, छत्तीसगड, उदेंत राजस्थान, गुजरात राज्य, कोंकण आनी गोंय, मध्य प्रदेश, महाराष्ट्र, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल हांगा  वीज पडपा वांगडा गडगड येवपाचो अदमास उक्तायला .

-------------------------------------

स्पोर्ट्स

**Sketing association** ऑफ गोवा वतीन बेतूळ हांगा **ONGC** हेली पेडाचेर 26 **oct** राक 8 वी राज्य स्त्रीय रोलीग **Sketing** सरत जातली. हातूतले खेळगडे 5 ते 15 डिसेंबर मज गती जावपी भारतीय रोलर **Sketing** महासंघाच्या 63 व्या स्पीड **Sketing** सरती खातीर वेचतले

-------------------------------------